काम बंद आसतना पयशे कापनासतना आपल्या कर्मचाऱ्यांक पगार दिवपाचो एनईसीचो आदेश

पणजी, 4 एप्रील, 2020

सगळ्या मालकांनी, उद्देग आसूं वा दुकानां आनी वेवसायीक आस्थापनां आसूं, तांच्या कामाच्या सुवातेर काम करपी कामगारांक लॉकडावना वेळार तांचें आस्थापन बंद आशिल्ल्या काळांत पयशे कापनासतना थारिल्ल्या दिसा पगार दिवपाचो आदेश राष्ट्रीय कार्यकारी समितीन (एनईसी) दिला.

जंय कामगार, स्थलांतर केल्ले धरून, भाड्याक रावतात थंय, त्या मालमत्तेच्या मालकांनी एका म्हयन्या खातीर भाडें मागचें न्हय असोय आदेश तांणी दिला.

वयर दिल्ल्या मार्गदर्शक तत्वांचे उल्लंघन केल्यार आपत्कालीन वेवस्थापन कायद्या खाला तो एक फौजदारी गुन्यांव थारतलो आनी संबंदीत तरतुदी खाला कायदो मोडप्यां आड कारवाय जातली अशें तांणी मुखार स्पश्ट केला.

जर खंयचोय घर मालक कामगारांक आनी विद्यार्थ्यांक सुवात खाली करपाक बळजबरी करता जाल्यार तांचेर कायद्या खाला कारवाय जातली.

जर खंयच्याय मालकान आपल्या कामगारांक उबंतर सोडल्यार वा खंयच्याय घर मालकान अश्या कामगारांचेर वा विद्यार्थ्यांचेर सुवात सोडपाचो दबाव हाडल्यार, वा वयर दिल्लो खंयचोय आदेश मोडल्यार, वयर उल्लेखीत आदेशांचें उल्लंघन थारतलें आनी तांच्या आड सक्त कारवाय जातली अशें मुख्य सचीव श्री. परीमल राय हांच्या फुडारपणा खाला जाल्ल्या राज्य कार्यकारी समितीन नमुद केला.

DI/NB/JA/KM/2020

--
DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA